01.01.2026 @ 7.20 pm

- गोंयच्या पाच शेतकी पिकावळीक भौगोलिक संकेत (जीआय) टॅगांचे मानांकन मेळ्ळा
- सराकरी शिरविस करपी कर्मचाऱ्यांनी कामार ड्युटीचेंर आसतना आपले कार्यालयीन ओळखपत्र गळयात घालप सक्तीचे करपाचे निर्देश दिल्यात
- लायटीच्या लोडात वाड करीनासतना आदल्या लायटीच्या जोडणेचे points वाडल्या जाल्यार वीज खात्याची कारवाय जाव येता.
- देश-विदेशांतल्या लाखांनी पर्यटकां वांगडा गोयकारानी काल मध्यान रातीं बारा वरांचेर 2026 वर्साक व्हड खोशेन येवकार दिलो.

गोंयच्या पाच शेतकी पिकावळीक भौगोलिक संकेत (जीआय) टॅगांचे मानांकन मेळ्ळा. हांतुन ताळगांवचे वायंगे, हिलारियो आंबो, कोरगुट तांदुळ, काजुचो मुट्टो,तशेच मुशराद आंब्याचो आसपाव आसा. आजुन मेरेन गोंयच्या १५ वस्तुंक जी. आय मानांकन मेळ्ळा.ह्या पिकावळींक संबंधित जी. आय टॅग मेळिल्लयान गोयच्या शेतकाराचे कश्टीची चीज जाला अशे मुखेललमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.स्वयपुर्ण गोंय हो उपक्रम चालीक लायतना गोंयच्य मातयेत पिक घेवपी पिकावळीक जी. आय मानांकन मेळप ही अभिमानाची बाब अशे मुखेलमंत्र्यानम्हळा. गोयच्य ह्या पिकावळीक, पिकावळीच्या देशी जाती सांबाळप, ह्या पिकावळीक मार्केट मेळुन दिवप, तशेचं शेतीक उर्बा दिंवन शेतकारांच्या उत्पनात वाढ करपाची मोख सरकारान दवरला. गोंयच्या खाशेल्या उत्पादनाची राखण करून आनी मोल वाडोवपाक चालना दिवन, ही जी.आय मान्यताय अर्थीक उदरगत, शेतकी उद्देजकता, आनी ग्रामीण समृध्दींत म्हत्वाची भुमिका करतली, तेच बरोबर गोंयची वळख संवसाराक अभिमानान दाखयतली असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

सराकरी शिरविस करपी कर्मचाऱ्यांनी कामार ड्युटीचेंर आसतना आपले कार्यालयीन ओळखपत्र गळयात घालप सक्तीचे करपाचे निर्देश दिल्यात. सर्विस नेमाप्रमाण तशे करप बंधनकारक थारतले. जर कोणे हो नेम पाळ्ळो ना जाल्यार तांची शिस्तभंगाची कारवाय जावन central civil services rules 1964 प्रमाण कारवाय जातली असो आदेश सराकरान आयज जारी केला. गोंयात सुमार ६० हजार सरकारी शिरविस करपी कर्मचारी आसात. मात बऱ्याचशा वेळार कर्मचारी स्वतचे ओळकपत्र घालीनासतना काम करताता अशे सराकराच्य नदरेक आयला. प्रशासकीय सेवा दितना सरकारी कर्मचाऱ्याच्या ओळखफत्र घालप पयली पासुन नेमात आसा, मात तरीकय कांय जाण हो नेम पाळीनात.हे फांटभुयेरं शिस्तीचे महत्व लक्षात घेयत सराकारन हो आदेश आयज काडला. जाल्यार रान खात्यान जारी केल्लया एका आदेशाप्रमाण ह्यानफुडे झाडा कापतना रान अधिकाऱ्यांनी जमनिची मालकी तापासुनुच

परवानो दिवचो अशे म्हणला.हो परवानो दोन दिसा भितर रान खात्याच्या संकेतस्थलाचेंर अपलोड करप ह्या आदेशावरवी आता सक्तीचे केला. राज्यात बेकायदेशीर तऱ्हेन झाडांची तक्कल जावची न्ही म्हण सरकारान हो निर्णय घेतला. तशेंच सरकारान परवानगी दिल्ल्या कापणी आनी लुकसाण करपी लागवड वाठारांचेर नदर दवरपा खातीर गती शक्ती पोर्टलाचेर KML नकाशे अपलोड करप सक्तीचें केलां. ह्या आदेशांत मान्यताय मर्यादा आनी कालमर्यादेचो पुनरुच्चार केला, भरपाईची लागवड केली ना जाल्यार सुरक्षा ठेवी जप्त करपाची तरतूद आसा, आनी अपील सक्षम करपा खातीर उण्यांत उणेंच १० दिसांची मुदत दिवप सक्तीचें आसा.

लायटीच्या लोडात वाड करीनासतना आदल्या लायटीच्या जोडणेचे points वाडल्या जाल्यार वीज खात्याची कारवाय जाव येता. लायटीची जोडनि घेतना लोड म्हणल्यारुच लाटतिची जीतली भाराची मागणी केल्ली, ताच्या परस जर लायटीचो उपेग जाता , जाल्यार ही कारवाय जातली अशे वीज खात्यान कळीत केला. लोड वाडला जाल्यार संबंधित विभागीय उप-वीज केंद्रात वचुन लोड वाडोवन घेवचे अशे वीज खात्यान कळीत केला.

फ्रिज, गीझर , वोशिंग मशिन तशेचं हेर उपकरणाखातीर चड लायट लागता, मात ह्य लायटीचे पोयण्टंस सुरवेक लायटीचो ग्राहक दाखयना, उपरांत ह्या लायटीच्या पोयण्टांनी वाड जाता. ताका लागुन आपल्या लायटीच्या लोडाप्रमाण वीज जोडणी घेवप ह्यानफुडे सक्तीचे आसतले. जर ह्या नेमाक पाळो दिलो ना जाल्यार मात अशे करपी वीज गिऱ्हायकाचेर कारवाय जातली. घरगुती उपेगाच्य लायटीच्या उपेगाविंशी हो निर्णय महत्वाचो आसा.जर कोणे अशी बेकायदेशीरपणा केली जाल्यार ताका दंड भरचो पडटलो अशे वीज खात्यान कळीत केला.

२०२५-२६ शिक्षणिक वर्साखातीर, गगन भरारी शिक्षण येवजण तशेंच गुणवत्ता आधारीत पुरस्कार येवजण ह्या आदिवासी विद्यार्थ्याखातीर आशिल्ल्या दोनूय येवजण्यांची अर्जाची मुजत आता २८ फेब्रुवारी २०२६ मेरेन वाडयल्या. पात्र विद्यार्थ्यांनी ह्या येवजण्याखातीर अर्ज करचे अशे आवाहन आदिवासी कल्याण खात्यान केला. राज्य सरकाराच्या आदिवासी कल्यण विभागान या संबंधीचे परिपत्रक जारी करून सगळया शाळांक ते विशी म्हायती दिल्या. सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक ह्या तारखांची म्हायती दिवंची अशें मांगलां. तारखो अश्यो आसात: गगन भरारी शिक्षण येवजण तशेंच गुणवत्ता आधारीत पुरस्कार येवजणे खातीर सीएम स्कोलरशिप पोर्टलावरवी अर्ज करपाची निमणी तारीख – २८ फेब्रुवारी २०२६ ; शाळा पांवड्यार अर्ज तपासणेची निमणी तारीख – १० मार्च २६ ; जिल्हो पांवड्यार अर्ज तपासणेची निमणी तारीख – २० मार्च २६ अशी आसा. ह्या तारखांनी आनीक मुजत वाड मेळची ना अशें आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक निलेश धायगोडकर हांणी कळीत केलां.

देश-विदेशांतल्या लाखांनी पर्यटकां वांगडा गोयकारानी काल मध्यान रातीं बारा वरांचेर 2026 वर्साक व्हड खोशेन येवकार दिलो. दर्यादिगेवेल्या वाठारांतल्या रस्त्यांचेर वाहनांची गचमुडडी जाली. जायत्या सुवातींनी, जायत्या हॉटेलांनी तशेंच दर्यादिगेर नाचाच्यो कार्यावली आखील्यो तशेंच परदेशांतल्यान व्हड प्रमाणांत पर्यटक गोंयांत आईले. येरादारी पुलिसांक दीसभर ड्युटीचेर रावून रात मेरेनय रावचें पडलें. शेजारच्या कर्नाटक, तेलंगणा आनी महाराष्ट्रांतल्यान हजारांनी चार चाकी वाहनांतल्यान हजारांनी पर्यटक गोयांत आयले. क्रिस्त धर्माचे लोक इंग्लीश वर्स पाळटात म्हणून ह्या दिसा किरिस्तांव धर्मांत धर्मीक म्हत्व आसा. म्हणून राज्यांतल्या सगळया म्हत्वाच्या इगरजीनी उसरा मरेन मागणें मिस जालें. मध्यान रातीं 11:58 वरांचेर लायटी बंद जालीं आनी 12 वरांचेर म्हळयार 0:00 मिनटांनी इगर्जेच्यो घंटयो वाजल्यो. आनी लायटी सुरू जाल्ली आनी ईगरजेच्या फादरान 2026 वर्स सुरू जालां अशें जाहीर केलें.

गोंय सरकारान मुखेलमंत्री देव दर्शन येवजणेंत दुरुस्ती केल्या. ह्या येवजणेचो लाव आता पिराय 50-70 वर्सां मेरेनच्या गोयच्या नागरीकाकं मेळटलो. ह्यानपयली ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक फकत ६० वर्सा पिरायेची मर्यादा आशिल्ली. आता ती ७० केल्या. ह्या येवजणेवरवी पात्र उमेदवाराक ऑनलायन अर्ज करच पडटले, अर्ज फकत ऑनलायन पध्दतीनुच स्विकारतले. तशेच यात्रे खातीर अर्ज करप्यान आपली मानसिक आनी शारीरीक भलायकी घटमुट आसा अशे प्रमाणपत्र सादर करचे पडटले. मुखेलमंत्री देव दर्शन येवजणेंत दुरुस्तीविंशी आयज समाज कल्याण खात्यान अधिसुचोवणी जारी केल्या.

मुखेलमंत्री देवदर्शन यात्रा ह्या येवजणेवरवी भारतांतल्या वेगवेगळया धर्मीक थळांचेर देवळा भेट दिवपाक सुविधा दिवपा खातीर,तशेंच सांस्कृतीक पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर, गोंय सराकरान चालीक लायल्या. अयोध्या, वेलांकाणी, प्रयागराज, शिरडी, तीर्थयात्रांचे ह्या येवजणेवरवी आयोजन जाता. ह्या येवजणेक गोंयकारांकडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळळा.

वखदां नासतना रोग आनी ताण मुक्त निरोगी आनी सुखी जिणे खातीर दरेकल्यान नेमान योग करचो अशें नामनेचे योगगुरू जयंत प्रभुदेसाय हाणी म्हळे.शिरोडेच्या श्री शिवनाथ संस्थान हांगाच्या श्री रवळनाथ देवळाच्या सभाघरांत आयोजीत केल्ल्या प्रगत योग प्रशिक्षण शिबिराच्या समारोप सुवाळयांत प्रभुदेसाय मुखेल मार्गदर्शक म्हणून उलयताले. शिबिराच्या उक्तावण सुवळयात सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ल्या भारत स्वाभिमान गोंयचे माजी जिल्हो अध्यक्ष एकनाथ पास्ते हांणी शिबिराचें उक्तावण केलें. ह्या शिबिरांत प्रशिक्षीतांक ओंकार साधना, सूर्य नमस्कार आनी वेगवेगळया प्रकारच्या प्राणायामाचें वेव्हारीक प्रशिक्षण आनी सोप्या योग आसनांचें मुखेल योग प्रशिक्षक जयंत प्रभुदेसाय आनी योग थेरपिस्ट डॉ रुपाली बांकर, हांच्या बरोबर तनुजा राऊल, संदीप नायक, छाया पालकार, सुदेश नायक, मनीषा सकटे, सुरेखा नायक आनी उदय शिंदे हाणी मार्गदर्शन केले. आयोजक लक्ष्मण नायक अशील्ले.

मजगतीं, योग प्रशिक्षणाक तरणाट्यांचो उत्कृश्ट आनी वाडत आशिल्लो प्रतिसाद मतींत दवरून श्री. शिवनाथ संस्थान आयतारा सोडून दर दिसा सकाळीं 5:45 ते 7:15 रवळनाथ देवळाच्या सभाघरांत नेमान योग प्रशिक्षण वर्ग सुरू केल्यात.

सरकारन १ फेब्रुवारी ही तारीख अधिसूचित केल्या , ज्या दिसापासून तंबाखू उत्पादनांर अतिरिक्त उत्पादन शुल्क आणि पान मसाल्यार नवीन उपकर आकारतले. तंबाखू आणि पान मसाल्यावेले हे नवीन कर जीएसटी दराव्यतिरिक्त असतले  आणि सध्या अशा 'सिन गुड्स' म्हण्ल्यार  (हानिकारक वस्तूंचेर) आकारील्या नुकसानभरपाय  उपकराची सुवात घेतले.

१ फेब्रुवारीपासून, पान मसाला, सिगारेट, तंबाखू आणि तत्सम उत्पादनांचेर ४० टक्के जीएसटी दर लागू जातलो  तर बिडीचेर १८ टक्के वस्तू आणि सेवा कर (जीएसटी) लागतलो. याव्यतिरिक्त, पान मसाल्यार भलायकी  आणि राष्ट्रीय सुरक्षा उपकर आकारतले , तर तंबाखू आणि संबंधित उत्पादनांर अतिरिक्त उत्पादन शुल्क आकारतले.

गोवा क्रिकेट असोसीयेशनाच्या दक्षिण विभागीय ब गट क्रिकेट सरतीत बांदोडा युथ क्लबान कुडचडे क्रिकेट क्लबाचेर ६५ धावद्यांनी जैत मेळयले. तर बार्देझ विभागीय ब गट क्रिकेट सरतीत कांदोळी असोसीयेशनान युनायटेड क्रिकेट क्लब म्हापसाचेर जैत मेळयले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान  ३0 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १९  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला